गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 03 वर्स 2026**

**13.03. 2026 दिसा प्रकाशीत केल्या**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळया पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 27. 03. 2026 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.gov.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

टीप:1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.

• गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)

• ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.

• अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई-चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळया उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टीप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रामाणीत अशें मानतलें.**

## I. भलायकी सेवा संचालनालय

**सहाय्यक मलेरिया अधिकारी (एण्टॉमोलोजिस्ट नॉन मॅडिकल)** ....1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणीः** मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें

**पिरायः** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यकः**(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कीटकशास्त्रांत(Entomology) खाशेलपणां सयत कीटकशास्त्रांत (Entomology) वा प्राणीशास्त्रांत(Zoology) पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम.

(ii) वैजकी कीटकशास्त्र(Medical Entomology) वा फिलारिओलॉजी वा मलेरियालॉजी ह्या क्षेत्रांत अध्यापन आनी/वा संशोधन आनी/वा नियंत्रणांत उण्यांत उण्या 3 वर्सांचो अणभव.

iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः-**(i) मलेरिया कीटकशास्त्र(Malaria Entomology) वा प्रगत वैजकीय कीटकशास्त्र(Medical Entomology) वा फिलारिओलॉजी वा मलेरियालॉजीचें प्रशिक्षण घेतिल्लें आसूंक जाय.

(ii) मराठीचें गिन्यान.

## <u>II. वेवसायीक कर खातें</u>

राज्य कर अधिकारी ....22 पदां (2- एसटी,8- ओबीसी, 2- ईडब्ल्यूएस,10 – अनारक्षीत)

22 पदांतलीं 2 पदां दिव्यांग व्यक्तीं खातीर आरक्षीत
(1 पद भेड्डो आनी कमी आयकुप्यां खातीर जाल्यार
1 पद सेरेब्रल पाल्सी ,कुश्टरोगांतल्यान बरो जाल्लो,
गिड्डो ,ऍसीड हल्ल्याचो बळी आनी मस्क्युलर
डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर अपंगत्व)

टीप 1: जरी दिव्यांग व्यक्तीच्या वर्गांत उमेदवार उपलब्ध नासल्यार ,अनारक्षीत पदांतले समान जागे खाली दवरतले.

**वेतन श्रेणी:** मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें

**पिराय 45 -** वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक :** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान, वाणिज्य वा अर्थशास्त्र विशयांत पदवी वा तत्सम.

(ii) सनदी लेखाकार संस्थेचे सहकारी वांगडीपद वा सरकारी वा निम-सरकारी संघटणेचो वाणिज्य लेखांत वा वाणिज्य वा बँक संस्थेंत वा सनदी लेखाकार संस्थेंत 3 वर्सांचो अणभव.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी वा तत्सम.

(ii) मराठीचें गिन्यान.

## <u>III .रान खातें</u>

**सहाय्यक संवर्धक,रान खातें (Assistant Conservator of Forest) ..2 पदां (1-ओबीसी,1-अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें

**पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-**

**आवश्यक:** (i) A. रान संशोधन संस्था आनी महाविद्यालय, देहरादून वा तत्सम कडल्यान असोसिएटशिप डिप्लोमा.

वा

B. मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची वा तत्सम विद्यापिठाची सैमीक विज्ञान वा कृषी वा गणीत वा सांख्यिकी वा भूंयशास्त्र वा यंत्रिकी अभियांत्रिकी वा नागरी अभियांत्रिकी वा रसायन अभियांत्रिकींत पदवीधर, शुद्ध (प्यूअर) गणीत वा सांख्यिकी आशिल्ल्या पदवीधरान उच्च माध्यमीक/मॅट्रीक वा तत्सम परिक्षेंत सकयल दिल्ल्या विशयांतलो एक विशय घेतिल्लो आसूंक जाय.

(1) जीवशास्त्र

(2) भौतीक शास्त्र

(3) रसायनशास्त्र

अर्थशास्त्र आनी गणीत विशय घेवन विज्ञान पदवीधर जाल्ले लेगीत पात्र थारतले.

(ii) आवाज आयकुपाची क्षमते सयत घटमूठ आंगलोट आशिल्ले आनी कठोर भायल्या कामा खातीर फिटनॅस उण्यांत उणी उंचाय 163 सेमी. आनी छाती 79 सेमी आसूंक जाय. (iii) 4 वरां भितर 25 कि.मी. चलपाची शारिरीक चांचणी करूंक तयार आसूंक जाय.

**टीप:** वेंचिल्ल्या उमेदवारां कडेन असोसिएटशिप डिप्लोमा नासल्यार, तांकां रान सेवा महाविद्यालयां, देहरादून वा राज्य रान सेवा महाविद्यालय आनी संशोधन केंद्र बर्निहाट(आसाम मेघालया शिमो) वा एॅफ. आर. आय. आनी सी. देहरादून असोसिएटशिप डिप्लोमांत, निवड जाल्या उपरांत रोखडेंच प्रशिक्षणा खातीर धाडटले. वयर सांगिल्ल्या प्रशिक्षणांत अपेस आयल्यार तांकां सहाय्यक आयुक्त म्हूण सेवेंत दवरपाचो दावो करपाक आडखळ येतली.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिकः– (i) मराठीचें गिन्यान.

## IV. पशू संवर्धन आनी पशू वैजकीय सेवा संचालनालय

### गोंय पशू वैजकीय आनी पशू विज्ञान महाविद्यालय

1. प्राध्यापक :

(i) (वॅटरनेरी एॅनाटमी आनी हिस्टॉलॉजी)

(Veterinary Anatomy and Histology) ......1 पद (अनारक्षीत)

(ii) (वॅटरनेरी फिजीयोलॉजी आनी वॅटरनेरी बायोकॅमेस्ट्री)

(Veterinary Physiology and Veterinary Biochemistry) ......1 पद (अनारक्षीत)

(iii) (लायव्हस्टॉक प्रॉडक्शन आनी मॅनेजमॅण्ट)

(Livestock Production and Management) ......1 पद (अनारक्षीत)

(iv) (इंस्ट्रक्शनल लायव्हस्टॉक फार्म कॉम्प्लॅक्स)

(Instructional Livestock Farm Complex) ......1 पद (अनारक्षीत)

(v) (वॅटरनेरी क्लिनीकल कॉम्प्लॅक्स)

(Veterinary Clinical Complex) .....1पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी**: वेतन मॅट्रिक्स टप्पो -14 + 20% गैर सराव भत्तो

**पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i)भारतीय पशू वैजकीय मंडळाची मान्यताय आशिल्लें पशू वैजकीय विज्ञान आनी पशु संवर्धनाची पदवी.

(ii) भारतीय पशू वैजकीय मंडळाच्या मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा महाविद्यालयांतल्यान उण्यांत उणे 55 टक्के गुणां सयत संबंदीत शाखेंतली खाशेली पदव्युत्तर पदवी, (वा ग्रेडिंग पद्दत पाळटले जाल्यार पॉयण्ट स्केलांत तत्सम ग्रेड).

(iii) संबंदीत विशयांत पीएच.डी.

(iv) पीएच. डी. पदवी खातीर सारिल्लो काळ सोडून संबंदीत क्षेत्रांत अध्यापन/संशोधन/विस्तार उपक्रमांचो उण्यांत उणे धा वर्सांचो अणभव (तातूंतलीं तीन वर्सां सहयोगी प्राध्यापकाच्या कॅडरांत आसूंक जाय).

(v) भारतीय पशू वैजकीय मंडळ/राज्य पशू वैजकीय मंडळांत नोंदणी.

(vi) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः-** मराठीचें गिन्यान.

2. सहयोगी प्राध्यापक :

(i) (वॅटरनेरी ऍनाटमी आनी हिस्टॉलॉजी)

(Veterinary Anatomy and Histology) ......1 पद (अनारक्षीत)

(ii) (वॅटरनेरी फिजीयोलॉजी आनी वॅटरनेरी बायोकॅमेस्ट्री)

(Veterinary Physiology and Veterinary Biochemistry) ......1 पद (अनारक्षीत)

(iii) (लायव्हस्टॉक प्रॉडक्शन आनी मॅनेजमॅण्ट)

(Livestock Production and Management) ......1 पद (अनारक्षीत)

(iv) (वॅटरनेरी क्लिनीकल कॉम्प्लॅक्स)

(Veterinary Clinical Complex) ......1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी**: वेतन मॅट्रिक्स टप्पो-13A + 20% गैर सराव भत्तो

**पिराय**- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i)भारतीय पशू वैजकीय मंडळाची मान्यताय आशिल्लें पशू वैजकीय विज्ञान आनी पशू संवर्धनाची पदवी. (ii) भारतीय पशू वैजकीय मंडळाच्या मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा महाविद्यालयांतल्यान उण्यांत उणे 55 टक्के गुणां सयत संबंदीत शाखेंतली खाशेली पदव्युत्तर पदवी, (वा ग्रेडिंग पद्दत पाळटले जाल्यार पॉयण्ट स्केलींत तत्सम ग्रेड).

(iii) संबंदीत विशयांत पीएच.डी.

(iv) पीएच. डी. पदवी खातीर सारिल्लो काळ सोडून संबंदीत क्षेत्रांत अध्यापन/संशोधन/विस्तार उपक्रमांचो उण्यांत उणो आठ वर्सांचो अणभव (तातूंतलीं तीन वर्सां एकॅडेमीक एल-12/सिलॅक्शन ग्रेडींत आसूंक जाय).

(v) भारतीय पशू वैजकीय मंडळ/राज्य पशू वैजकीय मंडळांत नोंदणी.

(vi) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिकः- मराठीचें गिन्यान.

3. सहाय्यक प्राध्यापक :

(i) (वॅटरनेरी ऍनाटमी आनी हिस्टॉलॉजी)

(Veterinary Anatomy and Histology) ......2 पदां (अनारक्षीत)

(ii) (वॅटरनेरी फिजीयोलॉजी आनी वॅटरनेरी बायोकॅमेस्ट्री)

(Veterinary Physiology and Veterinary Biochemistry) ......4 पदां (1-ओबीसी 3-अनारक्षीत)

(iii) (ऍनिमल जॅनेटीक्स आनी ब्रिडींग)

(Animal Genetics and Breeding) ......1 पद (अनारक्षीत)

(iv) (ऍनिमल न्युट्रीशन)

(Animal Nutrition) ......1 पद (अनारक्षीत)

(v) (वॅटरनेरी मेडिसीन)

(Veterinary Medicine) ......3 पदां (अनारक्षीत)

(vi) (वॅटरनेरी गायनॅकोलॉजी)

(Veterinary Gynaecology and obstetrics) ......2 पदां (अनारक्षीत)

(vii) (वॅटरनेरी पॅथॉलॉजी)

(Veterinary Pathology) ......1 पद (अनारक्षीत)

(viii) (वॅटरनेरी सर्जरी आनी रेडियोलॉजी)

(Veterinary Surgery and Radiology) ......1 पद (अनारक्षीत)

(ix) (लायव्हस्टॉक प्रॉडक्शन आनी मॅनेजमॅण्ट)

(Livestock Production and Management) ......3 पदां (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी: वेतन मॅट्रिक्स टप्पो-10 + 20% गैर सराव भत्तो

पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i)भारतीय पशू वैजकीय मंडळाची मान्यताय आशिल्लें पशू वैजकीय विज्ञान आनी पशु संवर्धनाची पदवी.

(ii) भारतीय पशू वैजकीय मंडळाच्या मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा महाविद्यालयांतल्यान उण्यांत उणे 55 टक्के गुणां सयत संबंदीत शाखेंतली खाशेली पदव्युत्तर पदवी, (वा ग्रेडिंग पद्दत पाळटले जाल्यार पॉयण्ट स्केलींत तत्सम ग्रेड).

(iii) जरी आसल्यार, राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (NET) / राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (SLET) उत्तीर्ण केल्ली आसूंक जाय.

(iv) भारतीय पशू वैजकीय मंडळ/राज्य पशू वैजकीय मंडळांत नोंदणी.

टीप: विद्यापीठ अनुदान आयोगाचे मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया) पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक भरती खातीर NET/SLET ची किमान पात्रताय अटीचे आवश्यकतायेची सूट दितले.

(vi) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिकः- मराठीचें गिन्यान.

4. महाविद्यालयीन संचालक, शारिरीक शिक्षण आनी खेळ (College Director of Physical Education and Sports) ....1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें

**पिराय:** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान शारिरीक शिक्षण आनी खेळ वा शारिरीक शिक्षण आनी खेळां विज्ञान हातूंत उण्यांत उणे 55 टक्के गुणां सयत पदव्युत्तर पदवी, (वा ग्रेडिंग पद्दत पाळटले जाल्यार पॉयण्ट स्केलींत तत्सम ग्रेड).

(ii) विद्यापीठ / कॉलेजीक आंतर विद्यापीठ /आंतर कॉलेज सर्तींनी वा राष्ट्रीय पांवड्यार वस्तादपण सर्तींत राज्याचें प्रतिनिधीत्व केल्लें आसूंक जाय;

(iii) विद्यापीठ अनुदान आयोग (यूजीसी) वा विज्ञानीक आनी उद्देगीक संशोधन परिशदेन (सीएसआयआर) केल्ली NET वा विद्यापीठ अनुदान आयोगान (यूजीसी) मान्यताय मेळिल्ली SLET / SET सारकीच चांचणी उत्तीर्ण जाल्ले आसूंक जाय वा विद्यापीठ अनुदान आयोगाच्या (यूजीसी) मानकां प्रमाणें आनी पीएच.डी. पदवी दिवपाची प्रक्रिये प्रमाणें पीएच. डी. पदवी मेळिल्ली आसूंक जाय.
टीप: हेर अटींची पुर्तताय आनी तातूंतली सूट यूजीसी च्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाणें आसतली).

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :- (ii) मराठीचें गिन्यान

5. <u>महाविद्यालयीन ग्रंथपाल</u> (College Librarian) .... 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें

पिराय: 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणे 55% गूण घेवन लायब्ररी सायन्स आनी इन्फॉर्मेशन सायन्स वा दस्तावेजीकरण विज्ञानाची पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम वेवसायीक पदवी, (वा ग्रेडिंग पद्दत पाळटले जाल्यार पॉयण्ट स्केलींत तत्सम ग्रेड).

(ii) सातत्यपूर्ण बरी शिक्षणीक नोंद, वाचनालय संगणकीकरणाचें गिन्यान

(iii) विद्यापीठ अनुदान आयोग (यूजीसी) वा विज्ञानीक आनी उद्देगीक संशोधन परिशदेन (सीएसआयआर) केल्ली NET वा विद्यापीठ अनुदान आयोगाची (यूजीसी) मान्यताय मेळिल्ली SLET / SET सारकीच चांचणी उत्तीर्ण जाल्ले आसूंक जाय वा विद्यापीठ अनुदान आयोगाच्या (यूजीसी) मानकां प्रमाणें आनी पीएच.डी. पदवी दिवपाची प्रक्रिये प्रमाण पीएच.डी. पदवी मेळिल्ली आसूंक जाय. टीप: हेर अटींची पुर्तताय आनी तातूंतली सूट यूजीसी च्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण आसतली).

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

(v) मराठीचें गिन्यान

6. फार्म सहाय्यक वेवस्थापक (Assistant Farm Manager) (B.V.Sc.& AH)..... 1पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणीः** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो -7 + 20% गैर सराव भत्तो

**पिरायः** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यक-** (i) भारतीय पशू वैजकीय मंडळाची मान्यताय आशिल्ली पशू वैजकीय विज्ञान आनी पशू संवर्धनाची पदवी.

(ii) भारतीय पशू वैजकीय मंडळ/राज्य पशू वैजकीय मंडळांत नोंदणी.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** –(i) फार्म वेवस्थापनाचो अणभव.

(ii) मराठीचें गिन्यान.

7. फार्म सहाय्यक वेवस्थापक (Assistant Farm Manager) (B.Sc-Agri) ..... 1पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणीः** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें

**पिरायः** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यक -** (i) भारतीय कृषी संशोधन मंडळाच्या मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कृषी विशयांत पदवी.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** –(i) कृषी क्षेत्रांत उण्यांत उणे तीन वर्सांचो अणभव.

(ii)खावड उत्पादन आनी फार्म वेवस्थापनाचो अणभव आसूंक जाय.

(iii) मराठीचें गिन्यान.